Panaji National 7th October 2025 6.30pm

PM Mumbai

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सावन दोन दिसांच्या महाराष्ट्र भोंवडेर वतले. ते राज्यात वेग वेगळ्या विकास प्रकल्पांचे उद्घाटन करतले. मोदी सुमार 19,650 कोटी रुपया खर्चान बांदिल्ल्या नवी मुंबय आंतरराष्ट्रीय विमानतळाच्या पयल्या टप्प्याचें उक्तावण करतले. हो विमानतळ देशांतलो सगळ्यांत व्हडलो ग्रीनफील्ड विमानतळ प्रकल्प. हे भेटी वेळार सुमार 12 हजार 200 कोटी रुपयां खर्च करून बांदिल्ल्या मुंबय मेट्रो लायन-3 च्या फेज 2 बीचेंय प्रधानमंत्री उक्तावण करतले. ते पुराय मुंबई मेट्रो लायन 3चे राष्ट्रार्पण करतले हाचो एकूण खर्च 37,270 कोटी रुपयां मायज आसा. ही मेट्रो मार्गिका शारी वाहतूक परिवर्तनातलो एक महत्त्वाचा ट्प्पो थरतलो. प्रधानमंत्री मोदी 11 भौशीक येरादारी ऑपेरेटरा खातीर भारताचो पयलो एकीकृत कॉमन मोबिलिटी ऐप, मुंबय वन सुरू करतले. ह्या ॲपा वरवीं प्रवाशांक जायत्यो सोय मेळटल्यो.

British PM

ब्रिटीश प्रधानमंत्री केयर स्टारमर फाल्यां सावन दोन दिसांच्या भारत भोंवडेर येतले. भारत-यूके व्यापक रणनिती भागीदारीच्या वेगवेगळ्या वाठारांनी जाल्ल्या प्रगतीचो नियाळ स्टारमर आनी मोदी ह्या म्हयन्याच्या 9 तारखेक मुंबयंत ‘व्हिजन 2035’ च्या वेग वेगळ्या पैलूंनी घेतले अशें परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलां.तशेंच भारत-ब्रिटन व्यापक अर्थीक आनी वेपार करारा खाला संद सोदून काडपा खातीर दोनूय फुडारी वेवसाय आनी उद्देग प्रतिनिधीं कडेन संवाद सादपाची अपेक्षा आसा. प्रादेशिक आनी संवसारीक म्हत्वाच्या प्रस्नांचेरूय चर्चा जातली. तशेंच मुंबयंत जावपी ग्लोबल फिनटेक फेस्टाच्या सव्या आवृत्तींत प्रधानमंत्री मोदी आनी प्रधानमंत्री स्टारमर हाजीर रावतले. तशेंच उद्देग तज्ञ, धोरण निर्माते, आनी नवोन्मेषकां कडेन संवाद सादतले.

Cabinet

केंद्रीय मंत्रिमंडळाच्या आर्थिक व्यवहार समितीन २४ हजार ६३४ कोटी रुपयांच्या चार रेल्वे प्रकल्पांक मंजुरी दिल्या. ह्या प्रकल्पांत भुसावळ - वर्धा तिसरी आनी चवथी लायन, गोंदिया - डोंगरगड चवथी लायन, वडोदरा - रतलाम तिसरी आनी चवथी लायन आणि इटारसी - भोपाळ - बीना चवथी लायन हांचो आस्पाव जाता.आयज नवी दिल्लींत जाल्ले मंत्रीमंडळ बसके उपरांत मिडियाक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, ह्या प्रकल्पांची वट्ट लांबाय एक हजार 619 किलोमीटर आसा.

Jaishankar AI

आर्टिफिशियल इंटेलिजेंसच्या जबाबदार अंमलबजावणी खातीर विस्वास आनी सुरक्षीतताय गरजेची आसा अशे विदेश वेव्हार मंत्री डॉक्टर एस. जयशंकर हाणी म्हळां. ते आयज नवी दिल्लींत ट्रस्ट अँड सेफ्टी फेस्टिवल इंडियात उलयताले. येता त्या काळांत आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स लागून अर्थवेवस्थेंत बदल करतली, कामच्यो संवयो बदलतल्यो, नवे भलायकी उपाय तयार करतले आनी शिक्षणीक प्रवेश वाडयतली,अशें डॉ जयशंकर हांणी सांगलें.

Rajnath

2029 वर्सा मेरेन तीन लाख कोटी रुपयांचें संरक्षण उत्पादन आनी 50 हजार कोटी रुपयांची संरक्षण निर्यात साध्य करपाचें लक्ष्य सरकारान थारायलां अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज नवी दिल्लींत संरक्षण उत्पादनांतल्या संदांचेर परिशदेंत उलयतना सांगलें. देशांचे संरक्षण उत्पादन एक लाख 50 हजार कोटी रुपयां परस चड जालां, जें 2014 वर्सा फकत 46 हजार कोटी रुपया आशिल्लें अशें सिंग हाणी सांगले. संरक्षण निर्यातूय 24 हजार कोटी रुपया मायज जाल्या अशे तांणी सांगले.

Sitharaman

सरकारान थेट लाव हस्तांतरणां वरवीं 431,000 कोटी रुपयाची बचत केल्या, अशे अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें. सीतारामन हाणी आयज मुंबयंत जाल्ल्या ग्लोबल फिनटेक फेस्टिवलांत गिफ्ट सिटीत परकीय चलन सेटलमेंट सिस्टम सुरू केली. त्या वेळार त्यो उलयताल्यो.

IMD

हवामान खात्यान आयज हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, रायलासीमा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी भारताच्या ईशान्य राज्यांतल्या वाताराणी पावस पडपाचो अदमास युक्तायला.

Judo

पेरूंत जाल्ले जूडो ज्युनियर वर्ल्ड चॅम्पियनशिपांत भारताचे लिंथोई चानमबम हाणें भारताचें पयलें पदक जिखून इतिहास रचलो.